आकाशवाणी पणजी

16 /04/2025

प्रादेशिक खबरो

7.20 पीp m

<u>मुखेल खबरो</u>

साखळी शाराक गोय राज्यांतलें एक आदर्श शार करपाहेतान साखळी मास्टर प्लॅनची नियोजनबद्ध आखणी करून शाराची सर्वांगी उदरगत करपाचॊ सरकारचो हावेस आसा अशे मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणी म्हळा .

उत्तर गोय जिल्हो पंचायत वांगडी समीतीन एक राष्ट्र एकवेचणूकेक तेको दीवपाचो तशेंच केंद्र सरकारान वक्फ विधेयकात केल्ल्या दुरुस्तीक येवकार दीवपाचो थाराव घेतला.

अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयाच्या अन्न सुरक्षा अधिकाऱ्यांनी अन्न सुरक्षा आनी मानक कायद्या खाला उण्या दर्ज्याचो शेव, चिवडो, काजू आनी पालक चक्री उत्पादक आनी विक्रेत्यां आड कारवाय सूरू केल्या.

अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयाच्या अन्न सुरक्षा अधिकाऱ्यानी अन्न सुरक्षा आनी मानक कायद्याखाला उण्या दर्ज्याचो शेव चिवडा, काजू आनी पालक चकली उत्पादक आनी विक्रेत्यांक दंड फारीक करपाचो आदेश दिला

राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाची प्रभावी अंमलबजावणी करपा खातीर राज्यांतल्या सगल्या तालुक्यां खातीर एन.ई.पी. मित्र समित्यो तयार केल्यात.

<u>120</u>

प्रधानमंत्री मुफ्त बीजली सुर्यघर येवजणेचो लाव गोंयच्या 500 वयर लाबार्थ्यांक जाला अशी म्हायती केद्रीय वीज राज्य मंत्री श्रीपाद नायक हांणी दील्या. जाल्यार पयल्या टप्प्यात अर्ज केल्ल्या 346 लाभधारकांखातीर 1 कोटी चार लाख 92 हजार रूपयाचो नीधी वितरीत केला अशी म्हायती श्रीपाद नायक हांणी दील्या.

ह्या वर्साभीतर गोयात 50 % सौरउजेचो कव्हरेज करपाची मोख दवरल्या अशे श्रीपाद नायक हांणी म्हणला.

तशेंच प्रधानमंत्री कीसान येवजणेवरवी कुसुम सोलर पंम्प बसोवपाक शेतकारांनी मुखार सरचे अशे आवाहन तांणी केला.सध्या गोयांत 40 जाणांनी कुसुम येवजणेचो लाव घेतील्ल्याची म्हायती तांणी दील्या.बेगीनुच डीसल पम्पाच्या बदला सोलर पम्प बसोवपाक गोयात सुरू करतले अशे तांणी सांगले.

मे म्हयन्याच्या पयल्या सप्तकासांवन पंचायतीनी प्रधानमंत्री मुफ्त बीजली सुर्यघर येवजण तशेच कुसुम येवजणेवरवी सोलर पम्प कशे मेळोवप हे वीशी जागृताय करतले अशी म्हायती श्रीपाद नायक हांणी दील्या.

<u>मुख्यमंत्री 185</u>

साखळी शाराक गोय राज्यांतलें एक आदर्श शहर करून आनि साखळी संदर्भात मास्टर प्लॅनची व्यवस्थित नियोजनबद्ध आखणी करून त्या माध्यमातल्यान शाराची सर्वांगी उदरगत करपाचॊ सरकारचो हावेस आसा. कला ,क्रीडा, भलायकी आनी शिक्षण या क्षेत्रात ची उदरगत करून मास्टर प्लॅन च्या माध्यमातून साखळी शहराची राज्यात एक नवी वळख निर्माण करतले आनि याच मास्टर प्लेनच्या माध्यमातून साखळी शहरातल्या रस्त्यांचे चौपदरी रुंदीकरण जातले अशे मत मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं उक्तायलें. साखळी शहरात चौपदरी रस्ता डांबरीकरण कामाच्या शुभारंभ सुवाळ्यांत मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत उलयताले .ह्या वेळार त्यांच्या वांगडा साखळीची नगराध्यक्ष सिद्धी पोरोब, उपनगराध्यक्ष श्री आनंद काणेकर, नगरसेविका रश्मी देसाई, नगरसेवक दयानंद बोरयेकर आनि हेर मानेस्त हजर आसले. चौपदरी रस्त्या रुंदीकरण कामाचो शुभारंभ केले उपरांत मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं मुखार सांगलें की या रस्त्या रुंदीकरण कामाच्या अंतर्गत सुर्वेक कदंबा बस स्थानक ते शिवाजी चौक उपरांत साखळी हॉस्पिटल ते होंडा पूल या रस्त्यांचे चौपदरी रस्तो

रुंदीकरण जातले. साखळी नगरपालिका आनि थळावो आमदार या नात्यान साखळी शहराचो मास्टर प्लॅन तयार जाला आनि साखळे

शहरात विंगडविंगड उदर्गतीची कामा करून मास्टर प्लान ची व्यवस्थित अंमलबजावणी करून येणाऱ्या काळात साखळी शहराक राज्यातले एक आदर्श शहर करतले अशे मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं मुखार सांगलें.

उत्तर गोय जिल्हो पंचायत वांगडी समीतीन आयजएक राष्ट्र एकवेचणूकेक तेको दीवपाचो तशेंच केंद्र सरकारान वक्फ विधेयकात केल्ल्या दुरुस्तीक विधेयकाक येवकार दीवपी थाराव घेतला. आयज उत्तर गोंय जिल्हो पंचायतीच्या वांगड्याची सर्वसाधारण बसकेत घेतला अशी म्हायती उत्तर गोय जिल्हो पंचायत समीतीचे अध्यक्ष शंकर चोडणकार हांणी दील्या.पणजे घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार ते उलयताले.24 एप्रिलाक उत्तर गोंय जिल्हो पंचायतीचो वर्धापन दीस .हे फांटभुयेर खासा कार्यावळ आयोजीत केला अशी म्हायती शंकर चोडणकार दीला.ह्या कार्यावळीक मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत मुखेल सोयरे म्हण हाजीर रावतले अशी म्हायती दील्या.ह्यावेळार उत्तर गोय जिल्हो पंचायत समीतीचे मुखेल अधिकारी डाॅ अजय गावडे, तशेंच जिल्हो पंचायत वांगडी सिद्धेश नायक तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले.

उण्या दर्ज्याचो शेव, चिवडो, चक्री उत्पादक, विक्रेत्याआड कारवाय

अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयाच्या अन्न सुरक्षा अधिकाऱ्यांनी अन्न सुरक्षा आनी मानक कायद्या खाला उण्या दर्ज्याचो शेव, चिवडो, काजू आनी पालक चक्री उत्पादक आनी विक्रेत्यां आड कारवाय सूरू केल्या. ह्या प्रकरणांत उत्तर गोंय अतिरिक्त जिल्होन्यादंडाधिकारी आनी न्याय अधिकाऱ्यान निवाडो दितना अन्न सुरक्षा आनी मानक कायद्याचे उल्लंघन केल्ले खातीर उत्पादक आनी विक्रेत्यांक दंड भरपाचो आदेश दिला.

उण्या दर्ज्याचो आनी सिंथेटीक कलर वापरून तयार केल्लो मिक्स शेव, चिवडो उत्पादन आनी विक्री केल्ले खातीर दामाजी के. म्हावळणकार (उत्पादक) आनी मे. महावीर बालाजी स्विट मार्ट, आल्त पर्वरी हांका एक लाख रूपया दंड भरपाचो आदेश दिलां. लेलेस काजू नांवान उण्या दर्ज्याचे काजू उत्पादन आनी विक्री केल्ले खातीर प्रकाश मे. गोवा काजू डेपोचे धनी प्रकाश बिश्णोय आनी जयराम बिश्णोय, उमतावाडो कळंगूट हांका दोन लाख रूपया दंड भरपाचो आदेश दिलां.

तशेंच दुसऱ्या एका कारवायेच्या प्रकरणांत उण्या दर्ज्याची पालक चक्री उत्पादन आनी विक्री केल्ले खातीर मे. जननी फुड प्रॉडक्टस, कुंद्रापूर उडपी, कर्नाटक हांका 20,000 रूपया,

जाल्यार प्रभू ट्रेडर्स, बांबोळे आनी मुकेश राजपुरोहित ओम साई जनरल स्टोअर, ताळगांव हांकां दरेकी 10,000 रूपया दंड भरपाचो आदेश दिला.

155

दिवचल म्हाल शेती व्यवसाय करपी लोकांचो म्हाल आसा. या मालात लोक भात, मिरची ,भाजीपालो, कांदे, काजू ,नाल हीं पिकां घेता .मात अंदू वर्सां मिरचीची लागवड करपी दिवचल मालातल्या शेतकऱ्यांनी भिरांत उक्तायल्या. हे संदर्भात माहिती दितना मये गावातले एक प्रगतिशील शेतकरी श्री विश्वास चोडणकर हाणीं आकाशवाणीच्या खबराकाराकडेन उलयतानां सांगलें की गावात आमी मिरची लागवड करून बऱ्या प्रमाणात पीक घेतां. मात मया मिरची लागवडीच्या पिकाक अंदू एक विचित्र प्रकाराचो रोग बुरशीच्या माध्यमातून लागलों. मिरची लागवड 50 टक्क्याच्या सकयल आयली.

हाका लागून मिरचीची लागवड तशेच हेर पीकां घेवपी शेतकामत्यांक नुकसान जावपाची भिरांत आसा. मये गावात मिरचीची लागवड करपी शेतकारांवांगडाच कांद्याची लागवड आनी भाजयो पिका घेतात .या विचित्र रोगाक लागून मिरचीची लागवड तशेच हेर पिका घेवपी शेतकऱ्यांक नुकसान जवळपाची शक्यता आसा. शेती खात्याचे अधिकारी नीलिमा गावस हाणीं आपल्या सांगात्यांक घेवन शतकामत्यांच्या मिरची लागवडीची पळोवणी केली. तेन्ना ही मिरची लागवड एका विचित्र प्रकारच्या रोगाक लागून पिड्यार जाल्याचे जाणवले. हे संबंधांन पुराय चौकशी केल्या उप्रांतआमी आमचो अहवाल सादर करतले अशे शेती खात्याचे अधिकाऱ्यांनी सांगले.

90

फ्रेंड्स ऑफ गुड गव्हर्नन्स आनी रवींद्र भवन साखळी ह्यांच्या जोडपालवान येता ते 30 मे 2025 या दिसा सरकारच्या सहा वर्षाच्या उपलब्धी संदर्भात उलोवपाची सर्त आयोजित केल्या. ही सर्त दोन गटात जातली. 18 ते 25 वयोगटात तशेच 26 ते 60 वर्षांच्या वयोगटाखातीर अशे दोन गट आसात. सर्ती खातीर 25000 , 15000 ,आनी 10000 अशी इनामां आसात. सर्तीत भाग घेवपी स्पर्धकांक नाव नोंदणी करपाखातीर 20 मे 2025 ही निमणी तारीख आसा. नाव नोंदणी तशेंच हे संदर्भात चौकशी करपाखातीर साखळी रवींद्र

भवनाकडेन वा 9673662083 /9623691447 या क्रमांकाचेर संपर्क साधचो अशे आवाहन आयोजकांनी केलां.

जान 100

राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाची प्रभावी अंमलबजावणी करपा खातीर राज्यांतल्या सगल्या बाराय तालुक्यां खातीर एन.ई.पी. मित्र समित्यो तयार केल्यात. तालुका पांवड्यावेल्या एन.ई.पी. मित्र समितीच्या वांगड्यां खातीर आयज पर्वरींतल्या एससीईआरटी कॉन्फरन्स हॉलांत एक कार्यशाळा आयोजित केल्ली. ह्या उत्तावण सुवाळ्याक राज्य शिक्षण प्रशिक्षण संस्थेची प्रशासकीय संचालक सरिता गाडगिळ हाजर. आशिल्यो. गोंय राज्यांत राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाची अंमलबजावणी सामकी सुटसुटीतपणान चालू आसा. उच्च माध्यमीक शाळेचे प्राचार्य, माध्यमीक शाळांचे दोन मुखेली, राज्य शिक्षण प्रशिक्षण संस्थेचे प्रतिनिधी, आनी भाग शिक्षण अधिकारी हांचो आस्पाव आशिल्ली ही समिती आतां दरेका तालुक्यांतल्या सगळया शाळांच्या मुखेल्यांक प्रशिक्षण दितली. एससीईआरटीचे राष्ट्रीय शिक्षण धोरण समन्वयक रुपेश सावंत हांणी पीपीटी वरवीं राष्ट्रीय शिक्षण धोरणा विशीं म्हायती दिली.

गोंय राज्य आयुष सोसायटी, राष्ट्रीय आयुष मिशन, भलायकी सेवा संचालनालय हांणी गोंय होमिओपॅथी मंडळाच्या सहकार्याने आयज पर्वरे सचिवालयांत जागतिक होमिओपॅथी दीस मनयलो. ह्या वर्सा जागतिक होमिओपॅथी दीसाची संकल्पना 'होमिओपॅथीन शिक्षण, सराव आनी संशोधन' अशी आसा. दर वर्सा 10 एप्रिलाक संवसारांत होमिओपॅथीचे जनक डॉ. सॅम्युअल हॅनिमन हांच्या जयंती निमतान निमित्त होमिओपॅथी दीस मनोवपात येता.

भलायकी सचीव श्री अरुण कुमार मिश्रा हांणी कार्यक्रमात उलयतना, होमिओपॅथिक वैजकीय प्रणाली 200 वर्सां पयली जर्मनीत विकसित जाली. ती दोन अपारंपरिक सिद्धांतांचेर आदारीत आसा. Like cures like - निरोगी मनशामदी समान लक्षणां निर्माण करपी घटकां वरवीं रोग बरो जावपाक शकता ही होमिओपॅथिची धारणा आसा. होमिओपॅथी ही उपचारांची एक सैमीक आनी सुरक्षीत पद्दत आसून लोकांचो ह्या उपचार पद्दतीचेर विस्वास आसा, अशें तांणी सांगलें.

कार्यक्रमाच्यो मुखेल उलोवपी डॉ. अमृता हेदे हांणी 'होमिओपॅथीतली प्रगत उपचार पद्धत' ह्या विषयाचेर व्याख्यान दिले.निवृत्त उप संचालक (आयुष) डॉ.दत्ता भट, जोड संचालक डॉ. शेखर वासुदेव शेट्ये आनी डॉ. श्वेता गांधी हांचो ह्या वेळार सत्कार जालो. भलायकी सेवा संचालक डॉ.रुपा नाईक, नोडल अधिकारी डॉ.महेश वेर्लेकर, गोंय होमिओपॅथी मंडळाचे अध्यक्ष डॉ. बिपिन साळकर, डॉ. हनुमंत राम, आयुषच्यो उपसंचालक डॉ. मीनल जोशी आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

मंडळाचे सचीव डॉ. राजेंद्र काणेकर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. .

कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन श्री उमेश खोलकर हांणी केले जाल्यार डॉ. विद्या मळीक हांणी निमाणे उपकार मानले.

90

राज्यांत चडांत चड आनी उण्यांत उणे तापमान मात्शें उणे जाला मात फुडल्या सात दिसानी राज्यांतलें तापमान चडांत चड ३४ ते३५ आंव सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान २४ अंश सेल्सियस मदीं आसतलें असो अदमास पणजी वेधशाळेन उक्तायला .हवामान खात्याच्या स्वयंचलीत केंद्राच्या नोंदी प्रमाण चडांत चड तापमान मोपा ३६.४अंश सेल्सियस,पेडण्या ३६.१ अंश सेल्सियस,म्हापशां३४.३ अंश सेल्सियस इतलें आसा.पणजेंत उण्यांत उणे तापमान २२.४अंश सेल्सियस आनी मूरगांवां २३.९अंश सेल्सियस इतलें आशिल्लें.२३मार्च तें २६ मार्च मजगतीं राज्यांतलें हवामान मान सुकें उरपाची शक्यताय आसा.वयल्या कांय दिसांनी सकाळीं कांय सुवातानी सुकें पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.